# <u>गोंय क्रांती दिसानिमतान राज्यपालाचो संदेश</u>

ता. 17 जून 2024

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून स्वातंत्र्य सैनिक भावां-भयणांक गोंय क्रांती दिसाची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, “18 जूनाच्या गोंय क्रांती दिसाच्या इतिहासीक प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक आनी खास करून स्वातंत्र्य सैनिक भावां-भयणांक म्हजी उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयता.

गोंय क्रांती दीस हो गोंयांक परकीय सत्तेतल्यान मुक्त करपा खातीर आपले रक्त सांडिल्ल्या ज्ञात आनी अज्ञात स्वातंत्र्य सैनिकांच्या म्हान त्यागाचो उगडास करपाक योग्य प्रसंग आसा. 18 जून हो गोंयच्या इतिहासातलो म्हत्वाचो दीस. 1946 वर्सा ह्याच दिसा स्वातंत्र्य चळवळीतले म्हान फुडारी डॉ. राम मनोहर लोहिया हांणी थळावें फुडारी आनी गोंयच्या धाडशी नागरीकांच्या सांगातान पोर्तुगीज सत्तेतल्यान गोंयांक मुक्त करपा खातीर स्वातंत्र्याची ज्योत पेटयली आनी निमाणे 19 डिसेंबर 1961 दिसा गोंय परकीय सत्तेतल्यान मुक्त जालें.

आयच्या ह्या उगडासाच्या दिसा आमी सगळ्यांनी तमाम हुतात्मे आनी स्वातंत्र्य सैनिकांक नमन करून आर्गां ओपूया, ज्या म्हान आत्म्यांच्या त्यागाक लागून गोंय आयज भरभराटीचे राज्य म्हूण फुडें आयिल्लें आसा, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/267

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.